# गोंय राज्य पत्रकार पुरस्कार जाहीर

ता. 25 ऑक्टोबर 2023

गोंय सरकाराच्या म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान गोंय राज्य पत्रकार पुरस्कार जाहीर केले. राज्य पत्रकार पुरस्कार समितीन पुरस्कार जैतवंतांची निवड केल्या. गोंय सरकार म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यावतीन बातमी आनी लेख ह्या प्रकारांत धा पुरस्कार दितात. रोख 25,000/- रूपया, प्रशस्तीपत्र आनी यादस्तीक स्वरूपात हे पुरस्कार दिवपात येता.

राष्ट्रीय एकात्मता आनी सामाजीक सलोखो गटांत उत्कृश्ट संपादक पुरस्कार गोवन वार्ताचे संपादक श्री. पांडुरंग गांवकार हांका "राजकारणातला भ्रष्टाचार थांबणार कसा?" ह्या संपादकीय बरपा खातीर फावो जाला. ग्रामीण पत्रकारितेखातीर टाईम्स ऑफ इंडिया चे श्री. मुरारी शेट्ये हांका 'Sattari Resident goes from poring pegs of liquor to poring over books, ह्या लेखा खातीर पुरस्कार फावो जाला. भौशीक भलायकी आनी नितळसाण बरपा खातीर नवहिंद टाईम्स च्यो दानुस्का द गामा हांका "Dealing with Dementia" ह्या बरपा खातीर पुरस्कार फावो जाला. बायला, भुरगीं आनी सामाजीक विशयावयल्या बातमी खातीर प्रुडंट मिडियाचे श्री विवेक प्रभू हांका हांका 'Disabled but self reliant, ह्या बातमी खातीर फावो जाला. खेळां पत्रकारितेखातीर टाईम्स ऑफ इंडिया चे श्री मार्कुस मर्गुलाव्ह हांका 'Blinded by fate, 17 year old champion athlete from Usgao sets sights on international stage' ह्या बातमी खातीर फावो जाला. कला आनी संस्कृती पत्रकारितेखातीर गोवन वार्ताचे अजय लाड हांका 'सांगे -पणसायमळ येथील कातळशिल्पे जगाच्या नकाशावर, ह्या बातमी खातीर फावो जाला.

उत्कृश्ट छायाचित्रकार पुरस्कार ( वर्साचे उत्कृश्ट छायाचित्र) टाईम्स ऑफ इंडिया चे (गोंय आवृत्ती) श्री. हेमंत परब हांका फावो जाला. शिक्षणीक पत्रकारितेखातीर प्रुडंटाचे श्री. स्वप्निल तारी हांका ' Coconut Drone', ह्या बातमी खातीर फावो जाला. सरकारच्या प्रगतीचेर लिखाणाखातीर टाईम्स ऑफ इंडिया च्यो गौरी मळकर्णेकर हांका "In mining belt,Goa food processing units turn home bakers into breadwinners, ह्या बातमी खातीर फावो जाला. पत्रकारीता जीवन गौरव पुरस्कार ज्येश्ट पत्रकार श्री. प्रमोद खांडेपारकर हांका जाहीर जाला.

हे पुरस्कार राष्ट्रीय पत्रकारिता दीस सुवाळ्यात 16 नोव्हेंबर 2023 दिसा भेटोवपात येतले.

ज्येश्ट पत्रकार श्री. सुधीर सबनिस, लेखक आनी न्युज रिडर (निवृत्त) श्री. मुकेश थळी आनी प्रोफेसर (निवृत्त) श्री. मिलिंद म्हाडगूत हे निवड समितीचे वांगडी आशिल्ले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/838

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.